*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*<u>सरकारी पत्रक</u>*

**<u>गोंय राज्याक इंडिया टुडेचो पुरस्कार</u>**

ता. 26 नोव्हेंबर 2019

गोंय राज्याक ल्हान राज्यांमदी उत्कृश्ट विकासाचे राज्य म्हुण हांलीच इंडिया टुडेचो पुरस्कार फावो जाला. आर्थिक, साधनसुविधां, पर्यटन, नितळसाण, पर्यावरण सांबाळ अशा मळार राज्यान केल्ल्या उत्कृश्ट विकासा खातीर हो पुरस्कार मेळ्ळा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पर्वरी पत्रकार परिशदेत सांगलें.

पंचायत मंत्री श्री. मॉविन गुदिन्हो, विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्री श्री. मायकल लोबो ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

आपले मंत्रीमंडळातले वांगडीं आनी अधिकाऱ्यांचे अभिनंदन करतना डॉ. सावंत हांणी सांगले, की कोयराची समस्या सोडोवपाक आधुनिक तंत्रज्ञान उपलब्ध करपा खातीर सरकारचे यत्न चालू आसात. तशेंच राज्यातल्या साधनसुविधांनी सुधारणां करपा खातीर गोंय राज्य साधनसुविधां विकास महामंडळान भर दिल्लो आसा.

राज्यांनी केल्ल्या एकंदर विकासाचे मुल्यमापन करून इंडिया टुडे वतीन अशें पुरस्कार दितात आनी असो पुरस्कार मेळप हो गोंया खातीर अभिमान जावन आसा, अशें श्री. मॉविन गुदिन्हो हांणी सांगले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/800

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA